Akashwani Panaji 30th April 2026 National news 8.40 am

* जोडणी आनी पर्यटनाक व्हड चालना दितना रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज जम्मू तवी रेल्वे स्टेशना वयल्यान विस्तारीत श्रीनगर-कतरा वंदे भारत एक्सप्रेस सेवेक पांचवो बावतो दाखय्तले.

* केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज सावन दोन दिसांच्या लदकाच्या भोंवडेर आसतले .

* वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी, भारत 2030-31 मेरेन वट्ट निर्यात 2 ट्रिलियन अमेरिकन डॉलराचे लक्ष्य साध्य केला अशे सांगला

* exit पोलानी आसमत भाज्पक जैत मेल्तले असो अदमास आसा

PM UP- GANGA EXPRESSWAY

उत्तर प्रदेशांतल्या हरदोई जिल्ह्यांत, 12 जिल्ह्यांतल्यान वचपी मेरठ आनी प्रयागराज हांकां जोडपी, 594 किमी लांबयेच्या गंगा एक्सप्रेस मार्गाचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तावण केलें. जशी गंगा, हजारांनी वर्सां उत्तर प्रदेशा खातीर जिवन रेखा जावन आसा, तेच प्रमाण हो एक्सप्रेस मार्गूय ह्या राज्याच्या उदरगतीची नवी जिवीत रेखा जातलो. आयज देशांत सगळ्यांत चड एक्सप्रेसवे आशिल्लें राज्य उत्तर प्रदेश जालां. उच्च गतीच्या ह्या मार्गाक लागून उत्तर प्रदेशांत जोडणी बऱ्याच प्रमाणात वाडटली, तेच बरोबर उद्देगीक गुंतवणूक, रसद, शेतकी विपणन आनी प्रादेशिक समतोलाक चालना मेळटली अशी अपेक्षा आसा अशे ह्या उक्तावनावेळार भरिल्लें सभेमुखार उलोवप करताना मोदी हानी म्हळें.

Yogi – Ganga Expresssway

प्रधानमंत्रीच्या कल्पने खाला राज्यांतली प्रगत मुळावी बांदावळ उदरगतीक चालना दिता , अशें गंगा एक्सप्रेस मार्गाचे उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पाक उत्तर प्रदेशाचे अर्थवेवस्थेचो फाटीचो कणो अशें वर्णन करतना ,एक्सप्रेसवे उद्देगीक वाड, पर्यटन आनी रोजगारा खातीर नवे मार्ग उक्ते करतले अशें

Voting

दोन पांवड्यांच्या  विधानसभा वेंचणुकेंत अस्तंत बंगालांत विक्रमी 92.47 टक्के मतदारांची संख्या नोंद जाल्या, जी स्वातंत्र्या उपरांत राज्यांत सगळ्यांत चड आसा. दुसऱ्या पांवड्यार मतदान टक्केवारी 91.66 टक्के जाल्यार 23 एप्रीलाक पयल्या पांवड्यार  93.19 टक्के आशिल्ली. विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या पांवड्यार  काल 142 सुवातींनी  मतदान जालें. ह्या म्हयन्यांत वेंचणुकेक गेल्ल्या पांचूय विधानसभांचो - अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, पुडुचेरी, केरळ आनी आसाम - 4 मेक मत मेजणी सुरू जातली.

Election

एक्झिट पोलांनी आसामांत भाजपाक जैत मेळटलें असो अदमास उकतायला. कितल्याशाच टीव्ही चॅनलांनी आनी खाजगी फर्मांनी केल्ल्या एक्झिट पोलांतल्यान भाजपाच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या युतीक आसामांत सुमार 87 ते 100 सुवाती मेळपाची शक्यताय आसा, जाल्यार काँग्रेसीक सुमार 26 ते 36 सुवाती मेळपाची शक्यताय आसा. अस्तंत बंगालांत कांय एक्झिट पोलांत भाजपाक जैत मेळटलें असो अदमास आसा जाल्यार कांय जाणांनी तृणमूल काँग्रेसीक (टीएमसी) जैत मेळटलें असो अदमास उकतायला. एक्झिट पोला प्रमाण भाजपाक सुमार 140 ते 160 सुवाती मेळपाची शक्यताय आसा, जाल्यार टीएमसीक सुमार 120 ते 140

सुवाती मेळपाची शक्यताय आसा. केरळांत एक्झिट पोला प्रमाण काँग्रेस परतून सत्तेर येवपाची शक्यताय आसा. एक्झिट पोलांत काँग्रेसीच्या फुडारपणा खाला युडीएफ 75 ते 90 जाग्यांचेर जैत मेळटलें, जाल्यार एलडीएफ 45 ते 60 जाग्यांचेर जैत मेळटलें असो अदमास उक्तायला. तमिळनाडूंतल्या चडशा एक्झिट पोलांनी डीएमकेच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या युती खातीर स्पश्ट आघाडी दाखयल्या. एक्झिट पोलांत डीएमकेक सुमार 112 ते 140 जागे मेळटले आनी एआयएडीएमकेक 60 ते 100 जागे मेळटले असो अदमास उक्तायला. पुडुचेरींत चड करून सगळ्या एक्झिट पोलांत एनडीए सरकाराक परतून सत्तेर येवपाचो अदमास आसा. तांणी एनडीए युतीक 16 ते 20 जागे मेळटले, जाल्यार डीएमके-काँग्रेस युतीक 6 ते 8 जागे मेळटले असो अदमास मांडला.

Vaishnav

जोडणी आनी पर्यटनाक व्हड चालना दितना रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज जम्मू तवी रेल्वे स्टेशना वयल्यान विस्तारीत श्रीनगर-कतरा वंदे भारत एक्सप्रेस सेवेक पांचवो बावतो दाखय्तले. सध्या श्रीनगर आनी श्री माता वैष्णो देवी कट्रा हांचे मदीं ही गाडी चलता, आतां जम्मू तवी मेरेन वाडयल्या. आतां ही गाडी आठ डब्यां बदला 20 डब्यांनी चलतली, जाका लागून क्षमता, जोडणी आनी सोयी खूब वाडटली. ह्या कृतीक लागून पर्यटनाक व्हडली चालना मेळटली, जाका लागून चड भोंवडेकारांक श्रीनगर सारकिल्ल्या गंतव्यांचेर आनी लागसारच्या आकर्शणांचो लाव घेवंक मेळटलो. जम्मू-श्रीनगर हांचे मदीं नेमान रेल्वे सेवा शेनवारा सुरू जातली. ही गाडी मंगळार सोडल्यार सप्तकांतले स दीस चलतली. पयली रेल्वे सेवा जम्मू तवीसावन सकाळीं 6:20 वरांचेर सुटतली आनी श्री माता वैष्णो देवी कटरा, रेसी, आनी बनिहाल स्टेशनांचेर थांबतली. ही गाडी सकाळीं 11:10 वरांचेर श्रीनगर पावतली आनी सुमार चार वरां पन्नास मिनटांनी प्रवास पुराय करतली. परत

येतना ही गाडी दनपारां 2:00 वरांचेर श्रीनगरांतल्यान सुटतली आनी दनपारां 6:50 वरांचेर जम्मू तवीक पावतली.

Shah

केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज सावन दोन दिसांच्या लदकाच्या  भोंवडेर आसतले . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्री  शाह हाणी , आपल्या भेटी वेळार बुध्द पूर्णिमा निमतान मे म्हयन्यांत 1 तारखे सावन सुरू जावपी भगवान बुध्दाच्या पवित्र अवशेशांचें पयलेच खेपे

sonoval

केंद्रीय बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी, भारत 2026-27 वित्तीय वर्सा 62 जहाजां जोडपाचो रस्तो नकासो तयार करून  51 हजार कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक केल्या अशे सांगला . काल नवी दिल्लींत होर्मुजखाडीतल्यान  संबंदी उच्च पातळेचेर आंतर मंत्रालयीन नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळून सोनोवाल हांणी भायल्या व्यत्ययां आड लवचीकपण वाडोवपा खातीर देशाची जहाज येरादारी क्षमता बेगोबेग वाडोवपाचो उलो मारला.

Goyal

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी, भारत 2030-31 मेरेन वट्ट निर्यात 2 ट्रिलियन अमेरिकन डॉलराचे लक्ष्य साध्य करता , तातूंत दरेकीं 1 ट्रिलियन वेपारी निर्यात आनी सेवा निर्यात आसा. आयज नवी दिल्लींत 2030-31 मेरेन 2 ट्रिलियन अमेरिकन डॉलर निर्यात मोख साध्य करपा खातीर प्लॅन ऑफ ऍक्शनाचेर जाल्ले पुनरावलोकन बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळे. दरेक क्षेत्रीय कृती नोडल संयुक्त सचीवाक दितात, पुरवण-बाजू वा मागणी-बाजू म्हणून वर्गीकृत करतात अशे तानी सांगले

सीएम दिल्ली

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हे बुदवारा राती अचकीत दिल्ली गेल्यात. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा, सरचिटणीस बी. एल. संतोष आनी राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांचे कडेन म्हत्वाच्या विशयांचेर चर्चा जातली. आगामी विधानसभा वेंचणुकेविशी चर्चा करपा खातीर, दिल्ली आयल्यात, अशी म्हायती प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी दिल्या.

Bank

अर्थीक सेवा खात्याचे सचीव एम नागराजू हांणी आयज नवी दिल्लींत भौशीक क्षेत्रांतल्या बँको (पीएसबी) आनी मुखेल खाजगी बँकां कडेन अर्थीक समावेश येवजणेचे प्रगती विशीं नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. प्रगतीचो नियाळ घेतना नागराजू हांणी अर्थीक समावेशाच्या मळार बँकांनी केल्ल्या यत्नांची वळख करून घेतली.

Announcement

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी ‘वृत्तनिवेदकाच्या’ पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची.अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे २०२६ आसा .

Imd

भारतीय हवामान खात्यान देशांतल्या जायत्या वाठारांनी गडगड, वीज , वारें आनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

Sports

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत  काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत सनरायझर्स हैदराबादान मुंबय इंडियन्साक 6 विकेटींनी हारयलो. जातली.

Partun ek favt aycho Mukhelkhabro

* जोडणी आनी पर्यटनाक व्हड चालना दितना रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज जम्मू तवी रेल्वे स्टेशना वयल्यान विस्तारीत श्रीनगर-कतरा वंदे भारत एक्सप्रेस सेवेक पांचवो बावतो दाखयतले.

* केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज सावन दोन दिसांच्या लदकाच्या  भोंवडेर आसतले .

* वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी, भारत 2030-31 मेरेन वट्ट निर्यात 2 ट्रिलियन अमेरिकन डॉलराचे लक्ष्य साध्य kea ashe sangla

* exit पोलानी आसमत भाज्पक जैत मेल्तले असो अदमास आसा